# साहित्यांत लोकसाहित्यांतल्या भक्ती संकल्पनेचोय आस्पाव जावचो

## कमलाकर म्हाळशी: 'कोंकणींतलें भक्ती साहित्य' परिसंवादाचें उक्तावण

भांगरभूंय । प्रतिनिधी

**मडगांव:** भक्ती साहित्यांत लोकसाहित्यांतल्या भक्ती संकल्पनेचोय आस्पाव जावचो आनी ताकाय स्थान मेळचें असो उलो कोंकणीतले ज्येश्ठ लेखक आनी संघटक कमलाकर म्हाळशी हांणी दिलो.

ते केंद्रीय साहित्य अकादमी, नवी दिल्ली आनी कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय हांच्या जोडपालवान आयोजीत केल्या 'कोंकणींतलें भक्ती साहित्य' ह्या परिसंवादाचे उक्तावण कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले.

कोंकणी लोकसाहित्यांतलीं कितलींशींच उदारणां दिवन हें साहित्य कशें भक्तीरसान रसरसून आयलां, हे विशीं म्हाळशी हांणी म्हायती दिली.



'कोंकणींतलें भक्ती साहित्य' ह्या परिसंवादांत उलयतना कमलाकर म्हाळशी. कुशीक प्रा. सुशांत नायक, डॉ. भुषण भावे, डॉ. ओम नागर आनी अन्वेषा सिंगबाळ.

प्रा. सुशांत नायक हांणी शंकराचार्यांच्या भक्ती साहित्या पसून सुरवात करून कबीर, मिरा, गुरुनानक ह्या सगळ्या संत परंपरांची म्हायती दिवन देश भरांतल्या भक्ती साहित्याची वळख हाजीर आशिल्ल्यांक करून दिली.

कार्यावळीचे अध्यक्ष साहित्य अकादमीचे कोंकणी सल्लागार, मंडळाचे निमंत्रक डॉ. भूषण भावे हांणी पंचमहाभुतांचो संदर्भ ज्या ज्या साहित्यांत आसा आनी ज्या ज्या साहित्यांत पंचमहाभूतांची प्रार्थना केल्या ताका देव भक्ती-साहित्य म्हणचें. साहित्य अकादेमीन नव्या विशयांक आपल्या परिसंवादांत सुवात दिल्या. विद्यार्थ्यांनी असले नवे संशोधनात्मक विशय आपल्या पीएच. डी. आनी तत्सम संशोधन कार्या खातीर घेवचे, असो उलो डॉ. भावे हांणी मारलो.

ह्या परिसंवादांत योगिता वेर्णेकार (हिंदू धर्मीक भक्ती साहित्य), फादर जुझे सिल्वेर (ख्रिस्ती धर्मीक साहित्य), सबिना मुल्ला (इस्लाम धर्मी भक्ती साहित्य) तशेंच डॉ. गुणाजी देसाय हांणी (हेर धर्मीक भक्ती साहित्य) ह्या विशयांचेर कागदां सादर केलीं.

मडगांवच्या कोंकणी भाशा मंडळाच्या भवनांत जाल्ले हे कार्यावळीक कोंकणी भाशा मंडळाची अध्यक्ष अन्वेषा सिंगबाळ हांणी सगळ्यांक येवकार दिलो. तशेंच साहित्य अकादेमीचे प्रादेशीक कचेरेचे प्रभारी डॉ. ओम नागर हांणी सुत्रसंचालन केलें आनी सगळ्यांचे उपकार मानले.